22nd August 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- सुदारणा ही सक्ती न्हय तर आपल्या सरकारा खातीर, एक वचनबद्धताय आनी खात्री आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. हि धोरणां लोकांक फाटबळ दिवपी आसात, अशें तांणी म्हळां.

- भारत-बांगलादेश शिमेचेर फेन्सिंग करपा खातीर, 1 हजार 129 एकर सुवात दिल्ले खातीर, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, राज्य सरकारची तोखणाय केल्या.

- भारत आनी नेपाळांन शिम वेवस्थापन आनी सुरक्षेत, द्विपक्षीय सहकार्य घटमूट करपाची वचनबद्धताय उक्तायली.

- आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमात, ब्रिक्स युवा आनी ब्रिक्स खेळां मंत्र्यांची बसका जातली.

- संवसारीक बॅडमिंटन चॅम्पियनशिपच्या सेमीफायनलीत आयज, भारतीय बायलांच्या दोट्टी गटात, ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद, चीनाच्या जोडये आड खेळटली.

PM Reforms -

सुदारणा ही सक्ती न्हय तर आपल्या सरकारा खातीर एक वचनबद्धताय आनी खात्री आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. हि धोरणां लोकांक फाटबळ दिवपी, वाड आनी उदरगतीची समर्थक आसात, अशें तांणी सांगलां. काल सांजे नवी दिल्लींत जाल्ल्या इकोनॉमिक टाइम्स वर्ल्ड लीडर्स फोरमांत, प्रधानमंत्री उलयतालें. आपल्या सरकारान सुदारणां खातीर स्पश्ट आराखडो तयार केला, जातूंत मुखेलपणान प्रशासकीय पावडयाचेर सुदारणा करपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां. देशाचो फुडार सुरक्षीत दवरपा खातीर भारत, धोरण पावडयार फुडले पिळगेंत सुदारणा करता. संवसारीक अर्थीक वातावरणा विशीं लेगीत प्रधानमंत्री उलयले.

नेपाळ इंडिया -

भारत आनी नेपाळ हांणी द्विपक्षीय सहकार्याच्या पुराय वर्णपटाचो नियाळ घेतलो आनी शिम वेवस्थापन आनी सुरक्षा हांचेर सहकार्य घटमूट करपाची आपली वचनबद्धताय उक्तायली. काल देहरादूनांत सोंपपी भारत-नेपाळ संयुक्त कार्यपंगडाचे 14वे बसके वेळार ही चर्चा जाली. दोन दिसांच्या बसकेंत शिमेभायर गुन्यांव आनी गुन्यांवकारी कार्यावळींचेर उपाय काडप, शिमेवयल्या मुळाव्या साधनसुविधांचो, रस्ते आनी रेल्वे नेटवर्काचो घटमूट आनी प्रभावी वापर, अतिक्रमण काडून उडोवप हांचेर चर्चा जाली, अशे केंद्रीय गृह मंत्रालयान निवेदनांत सांगला.

Amit Shah on Fencing -

नवे सरकार सत्तेर आयले उपरांत, 45 दिसां भितर राज्यांतल्या भारत-बांगलादेश शिमेचेर फेन्सिंग करपा खातीर 1 हजार 129 एकर सुवात, शिम सुरक्षा दळ (बी.एस.एफ) आनी सशस्त्र सीमा बल (एस.एस.बी) हांका दिल्ल्या खातीर, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी अस्तंत बंगालाचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांची तोखणाय केल्या. काल अस्तंत बंगालांतल्या सिलिगुरी हांगाच्या, रानीदंगा वाठारांतल्या एस.एस.बी शिमेवयल्या मुखेल कार्यालयांत, आयोजित कार्यावळीत मंत्री शाह उलयताले. घुसखोरी थांबवपा खातीर आनी राश्ट्रीय सुरक्षा राखपा खातीर शिमेचेर फेन्सिंग पुराय करप, म्हत्वाचें आसा. बेकायदेशीर स्थलांतराचेर सरकार आपलें शून्य सहिश्णुताय धोरण चालू दवरतलें, अशें मंत्री अमित शाहा हाणी मुखार सांगलें.

बांगलादेश -

बांगलादेश राष्ट्रवादी पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी मिर्जा Fakhrul Islam Alam-gir हांणी काल, ढाकाच्या बंगा-भाबन हांगा जाल्ल्या सुवाळ्यांत, बांगलादेशाचे 23वे अध्यक्ष म्हणून सोपूत घेतलो. संसदेचे उपसभापती कैसर कमल, हांणी तांका सोपूत दिलो.

VP GenZ -

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी भारताचीं संस्कृतीक मुळां सांबाळपाचें म्हत्व सांगुन, संस्कृतादेशाक एकवटीत करता, अशें सांगलां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या अंतर-हृदय कनॅक्ट मल्हार कार्यावळींत उलोवप करतना, उपराष्ट्रपती राधाकृष्णन हांणी तरणाट्यांक, खास करून जेन-झी हांकां, धीर आनी जापसालदारकेन, वेवस्था सुदारपाक आनी घटमूट करपाक योगदान दिवपाचो उलो मारला. तरणाट्यांनी भारताची विंगड विंगड सांस्कृतीक परंपरा पाळची अशे सांगून राष्ट्र भावना घटमूट करपी उपक्रमांचें म्हत्व तांणी उक्तायलें. भारतांतली शास्त्रीय संगीत परंपरा शेंकड्यांनी वर्सां तिगून उरल्या. संगीत शांतताय हाडटा आनी प्रदेश, भास आनी संस्कृतायेंतल्या लोकांक जोडटा, अशें उपराष्ट्रपतीन सांगले.

India Britain राजेश कुमार -

दिल्लींत दोनूय वटांनी मुखेल संवाद जाल्ल्यान भारत आनी ब्रिटन हांणी प्रशिक्षण आनी क्षमता निर्माण करून, दोनूय देशांच्या सशस्त्र दळां मदीं द्विपक्षीय आदान-प्रदान वाडोवपाचें मान्य केलां. संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हानी राष्ट्रीय राजधानींत, ब्रिटनाचे संरक्षण अवर सचीव जेरेमी पॉक-लिंग्टन हांचे वांगडा भारत-ब्रिटन संरक्षण सल्लागार गटाचे 25वे बसकेचे सह-अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. हे बसकेंत दोनूय देशांनी भारत-ब्रिटन दृश्टीकोन 2035 आनी धा वर्सांचो संरक्षण उद्देगीक आराखड्या वरवीं संशोधन आनी उदरगतीचेर भर दिवन, चालू आशिल्ल्या संरक्षण उद्देगीक सहकार्याचो नियाळ घेतलो.

संरक्षण मंत्रालयान, भारत-पॅसिफिकांतल्या दर्यावेल्या सुरक्षा सहकार्याक दोनूय वटांनी मान्यताय दिल्या. तातूंत भारत-पॅसिफिक म्हासागर उपक्रमांतल्यान प्रादेशिक दर्यावेल्या सुरक्षा उत्कृश्टताय केंद्राची स्थापणूक करपाचो आस्पाव आसा, अशे सांगले.

अश्विनी वैष्णव -

केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी, मोबायल फोन तयार करपाची येवजण - एम.पी.एम.एस सुरू केली. केंद्रीय मंत्रीमंडळान फाटल्या म्हयन्यांत 62 हजार 500 कोटी रुपयांचो अर्थसंकल्पीय खर्च करून, हे येवजणेक मान्यताय दिली. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना, मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें, ही येवजण 1 एप्रील 2026 सावन लागू जाल्या.

BRICS Sports Meet -

भारतांत आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमात, ब्रिक्स युवा मंत्री आनी ब्रिक्स खेळां मंत्र्यांची बसका जातली. ब्रिक्स युवा मंत्र्यांची बसका आयज जातली, जाल्यार फाल्यां खेळां मंत्र्यांची बसका जातली. ह्या बसकांचे अध्यक्षपद युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री dr मनसुख मांडवीया करतले, तातूंत युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा खडसे लेगीत वाटेकर जातली. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, युवा मंत्र्यांचे बसकेंत युवा उदरगत आनी सशक्तीकरणांत, सहकार्य घटमूट करपाचेर भर दितले. शिक्षण, कुशळटाय उदरगत, उद्देजकता आनी शाश्वत उदरगतिचेर हे बसकेंत चर्चा जातली.

BWF Badminton -

आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमांत, बी.डब्ल्यू.एफ बॅडमिंटन संवसारीक चॅम्पियनशिपच्या सेमीफायनलीत भारतीय बायलांच्या दोट्टी गटात ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद हांची जोडी, चीनाच्या पयल्या क्रमांकाच्या लियू शेंग शु आनी तान निंग हांचे आड खेळटली. ट्रीसा जॉली हाणी आयच्या खेळाविशी मत उक्तायला.

Jawlin Throw -

भारतीय भालो-फेकपटू नीरज चोपडान, लॉझान डायमंड लीगांत, हंगामांतलो सगळ्यांत बरो 88 पूज्य 05 मीटर भालो फेक करून, दुसरी सुवात मेळयली. ताचो भालो, श्रीलंकेच्या रुमेश थरंगा पथि-रागे परस, फक्त णव सेंटीमीटर फाटीं पडलो. पाथिरागेन तिसर्‍या यत्नान आघाडी मेळयली आनी उरिल्ल्या फेरयांनी, दोनूय खेळगडे आपले गूण वाडोवंक शकले नात. अँडरसन पीटर्सान 86 पूज्य 69 मीटरांनी तिसरी सुवात जाल्यार, केशॉर्न वॉल्कोटान 83 पूज्य 71 मीटरांनी, चवथो क्रमांक मेळयलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान, आयज उदेंत मध्य प्रदेशात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन आसाम, सिक्किम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा ह्या ईशान्य वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, बिहार, छत्तीसगढ़, उदेंत उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ओडिशा, अस्तंत बंगाल, उत्तराखंड आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत हवामानाची अशीच परिस्थिती, निर्माण जावपाची शक्यताय आसा.

एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- सुदारणा ही सक्ती न्हय तर आपल्या सरकारा खातीर, एक वचनबद्धताय आनी खात्री आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. हि धोरणां लोकांक फाटबळ दिवपी आसात, अशें तांणी म्हळां.

- भारत-बांगलादेश शिमेचेर फेन्सिंग करपा खातीर, 1 हजार 129 एकर सुवात दिल्ले खातीर, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, राज्य सरकारची तोखणाय केल्या.

- भारत आनी नेपाळांन शिम वेवस्थापन आनी सुरक्षेत, द्विपक्षीय सहकार्य घटमूट करपाची वचनबद्धताय उक्तायली.

- आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमात, ब्रिक्स युवा आनी ब्रिक्स खेळां मंत्र्यांची बसका जातली.

- संवसारीक बॅडमिंटन चॅम्पियनशिपच्या सेमीफायनलीत आयज, भारतीय बायलांच्या दोट्टी गटात, ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद, चीनाच्या जोडये आड खेळटली.